राष्ट्रीय खबरो

25.०५.२०२५ 6.30

मोदी 70

प्रधान मंत्री नरेंद्र मोदी आज सावन गुजरातच्या दोन दिसांच्या दौऱ्यार आसात. या दौऱ्यवेळार मोदी आज सांजे अहमदाबादातल्या खोडलधाम मैदानार ५,४०० कोटी रुपयांपेक्षा चड किमतीच्या विकास प्रकल्पांचे उक्तावण कर तले .आणि बुन्याद घालतले यानिमित्त ते एका भौशीक कार्यक्रमात उलयतले .फाल्या त्यांच्या दौऱ्याच्या दुसऱ्या दिसा, मोदी अहमदाबादातल्या हंसलपूरात हायब्रिड बॅटरी इलेक्ट्रोडचे थळावे उत्पादन आणि १०० देशांमदी बॅटरी इलेक्ट्रिक वाहन निर्यातीक पाच वो बांवटो दाखयतले

पीएम 50

प्रधान मंत्री नरेंद्र मोदी आज दिल्लीत त्यांचे फिजी सम पदस्थ सितेनी राबुका यांच्या कडे चर्चा करतल. भेट दिवपी मानेस्ताच्या सन्मानार्थ दनपारचे जेवण आयोजित करतले. राबुका काल तीन दिसांच्या भारत दौऱ्यार नवी दिल्लीत आयले. राबुका हांचे विमानतळाचेर शिक्षण राज्यमंत्री डॉ. सुकांता मजुमदार हांणी स्वागत केले. त्यांचे वांगडा तांची घरकान्न सुलुएती राबुका आसात.

शाह 130

संविधान (१३० वी दुरुस्ती) विधेयका आडच्या निदर्शनां खातीर केंद्रीय गृहमंत्री अमित शहा हाणी विरोधी पक्षांचेर टीका केली. एका खबरा संस्थेक दिल्या मुलाखतीत, शहा यांनी आरोप केला की विरोधी पक्षांचे फुडारी कादयेत आसतानाय सरकार स्थापन करपाचो आणि च लवपाचो प्रयत्न करतात. त्यांनी विधेयकाविरुद्ध विरोधी पक्षांनी केल्या निदर्शनांक अलोकतांत्रिक म्हणले.

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हाणीच या विधेयकाच्या आश्रयाखाला प्रधानमंत्री कार्यालय हाडपाचो आग्रो धरिल्लो हाचेर त्यांनी उजवाड घालो कायद्याचो हवालो दिवन, शाह हाणी म्हणले की, जर खंयच्च्याय वेचुन आयिल्या प्रतिनिधीक दोन वर्सां वा तेपरस अधिक काळ ख्यास्त जाली तर ताका संसद सदस्य म्हणून त्यांच्या पदावेल्यान मुक्त करतले आदले उपराष्ट्रपती जगदीप धनखड यांच्या राजीनाम्याबद्दल विरोधकांनी प्रश्न उपस्थित केल्याबद्दल, शाह हाणी म्हणले की धनखड हाणी

त्यांच्या वैयक्तिक भलायकेच्या समस्ये खातीर राजीनामो दिला. त्यांनी विरोधकानी हो मुददो चडज ताणू नये अशे ताणी सांगले. Byteसंविधान (१३० वी दुरुस्ती)

<u>मांडविया 100</u>

खेळा मंत्री मनसुख मांडविया हाणी म्हणला की, भारत २०४७ मेरेन, देशाच्या स्वातंत्र्याच्या शताब्दीपर्यंत जगातल्या पयल्या पाच खेळां राष्ट्रांमदी सुवात मेळोवपाची आकांक्षा बाळगीता. अहमदाबादात जाल्या राष्ट्रकुल वेटलिफ्टिंग चॅम्पियनशिपच्या उक्तावण समारंभात उलयताना  मांडविया हाणी म्हणले की, प्रधान मंत्री नरेंद्र मोदीच्या पुडारपणाखाला भारतान  खेळा क्षेत्रात व्हड प्रगती केली आणि या क्षेत्रात खुपशो सुधारणा सुरू केल्यात.  प्रधानमंत्रयांनी मुखावेल्या १० वर्सात देशाक जगातल्या पयल्या १० देशांमदी व्हरपाचे ध्येय दवरतले. देशात खेळा परिसंस्था निर्माण करप ही काळाची गरज आसा आणि सरकार ते निर्माण करपाक समर्पित आसा अशे मांडविया हाणी म्हणले. फाटल्या संसदेच्या अधिवेशनात सरकारान खेळा क प्रशासन विधेयक सादर केले  जे खेळाडू-केंद्रित विधेयक आसा. हे विधेयक राष्ट्रीय खेळा महासंघांमदी बायलांच्या प्रतिनिधित्वाक महत्त्व दिता.

<u>SSC 30</u>

निष्पक्ष  आनी पारदर्शक परिक्षा घेवपा खातीर आयोग कटिबद्ध आसा अशें कर्मचारी निवड आयोगान आयज परत सांगलें. आयज नवी दिल्लींत प्रसार माध्यमां कडेन उलयतना एसएससीचे अध्यक्ष एस.गोपालकृष्णन हानी तंत्रीक त्रुटी आनी गैरप्रकार  पयस करपा खातीर आयोगान घेतिल्ल्या पावलांचेर भर दिलो.

<u>शेर 30</u>

आज दनपारच्या व्यवहारात बेंचमार्क देशांतर्गत इक्विटी निर्देशांक, सेन्सेक्स आणि निफ्टी जवळजवळ अर्धा टक्क्यांनी वाडले.निमणो अहवाल आयलो तेन्ना सेन्सेक्स ४२२ अंकांनी वाढून ८१ हजार ७२८ वयर पावलो आणि निफ्टी १२४ अंकांनी वाढून २४ हजार ९९३ वयर पावला.

<u>स्पोर्ट्स 35</u>

भारताच्या शर्वरी सोमनाथ शेंडेन काल कॅनडातल्या विनिपेग हांगा जाल्या २०२५ च्या जागतिक युवा तिरंदाजी स्पर्धेत १८ वर्सा सकयल्या बायला वैयक्तिक रिकर्व्ह

श्रेणीत भांगरापदक जिंकले. १६ वर्साच्या शर्वरीन तणावपूर्ण अंतिम खेळात दक्षिण कोरियाच्या किम येवोनचो ६-५ असो पराभव केलो.

IMD 80

फाल्या मेरेन खुपशा राज्यांनी घोग्यांनी पावसाचो अदमास हवामान विभाग (IMD)न दिला मुखावेल्या दोन दिसांत देशाच्या वायव्य भागात दडकांनी ते अति दडकांनी पावसाची शिटकावणी भारतीय हवामान विभागान दिला. फाल्या म्हणसर गुजरात, ओडिशा, राजस्थान आणि उत्तराखंडात काय सुवातानी  दडकांनी ते अति दडकांनी पावस पडण्याची शक्यता आसा अरुणाचल प्रदेश, आसाम, मेघालय, बिहार, छत्तीसगड, दर्यादेग आंध्र प्रदेश, हरियाणा, पंजाब, दिल्ली, हिमाचल प्रदेश, जम्मू आणि काश्मीर, लडाख, गिलगिट-बाल्टिस्तान, मुझफ्फराबाद, उत्तर  प्रदेश, झारखंड, कोकण  आणि गोवा, घोग्यांनी पावस पडपाची शक्यता आसा